→ गोंय राज्याच्या सातव्या विधानसभेच्या सोळाव्या अधिवेशनाच्या समारोपा वेळार म्हजे विचार सगळ्या लोकप्रतिनिधींच्या माध्यमातल्यान गोंयच्या जनतेमुखार मांडपाचो म्हजो यत्न आसा.

→ विधानसभा हें भारतीय संविधानातल्या विचारांचे आणि उद्दीष्टांचें जतन आनी संवर्धन करपी एक पवित्र मंदिर जावन आसा.

→ "सत्यमेव जयते"-ची भावना अधोरेखित करपी आमचें संविधान, देशाच्या नागरिकांक तांचे मुळावे हक्क दिता. त्याच हक्कांचो वापर करून ही जनता तुमकां-आमकां निवडून हांगा आपले प्रतिनिधी म्हणून धाडटा.

→ गोंय विधानसभेचें ब्रीदवाक्य आसा;
"लोक शक्ती विशिष्यते".- POWER TO THE PEOPLE

→ हांव आयज कृतज्ञता व्यक्त करतां, म्हज्या "दिवचल" मतदारसंघातल्या तमाम जनतेक. ताणी म्हजेर दाखयल्ल्या विश्वासाक लागून हांव आमदार जावपाक शकलों. आनी तुमच्या सगळ्यांच्या सहकार्यान हांव सभापती ~~जावन~~ जालों.

→ आयज आमी ह्या सातव्या विधानसभेच्या निमण्या सत्रांत आसात. एका अर्थान आमी, पोरणी व्यवस्था वचून नवी व्यवस्था स्थापन जावपाच्या नैसर्गिक न्यायाक धरूनूच वाटचाल करतां.

→ ह्याच कारणान आमी फाटल्या पाँच वर्सांच्या कार्यकाळाचें "सिंहावलोकन" करपाची गरज आसा.

→ प्रत्येक विधानसभा आपल्या कार्यकाळांत लोकशाहिच्या कोषागारांत भर घालित आसता. विधानसभेंत घडपी घडणुको लोकशाहिच्या अभ्यासकांक खुप म्हायती दिता.

→ "प्रो-टेम" स्पिकराची कार्यकक्षा, सरकार व्यवस्थेतली स्थित्यंतरां राजकीय पक्षांचें विलीनीकरण, नव्या विचारांक गवसणी घालपी कायदे पारित जावप, अश्या अनेक अनुभवांची शिदोरी आमकां ह्या कार्यकाळांत मेळ्ळी.

→ गोंय राज्याचे एक अत्यंत तेजस्वी पुत्र मनोहरभाई पर्रिकर तशेंच बाब फ्रांसिस डिसोजा हे दोन अनुभवी आमदार ह्याच कार्यकाळांत संवसाराक अंतरले.

→ कार्यकाळाच्या सुरुवातीक सभापती आशिल्ले डॉ. प्रमोद सावंत २०१९ सावन मुख्यमंत्री म्हण राज्याची धुरा सांभाळ्ळी.

→ आपल्या सभापतीपदाच्या अनुभवाचो तांका राज्याचें प्रशासन चलोवपाक लाभ जाला अशें म्हणपाक हरकत ना!

→ पुराय भारत देश आनी जग COVID-19 महामारिच्या ~~...~~ कचाट्यांत फाटलीं दोन वर्सां झुंज दिता. तरिय गोंय विधानसभेचें कामकाज आवश्यक ती काळजी घेवन चलपाक शकलें हि खासा गजाल आसा.

→ ह्या काळांत अविरत सेवा दिवपी आणि प्रसंगीं आपले प्राण पणाक लावपी समेस्त FRONTLINE COVID WARRIORS हांका हांव ह्या सभाघराच्या वतीन आर्गां ओंपता!

→ फाटल्या पांच वर्सांत देश-विदेशातले खुप थोर व्यक्ती जांतु राजकारणी, कलाकार, खेळगडे, व्यावसायिक; ह्या संवसाराक अं आमच्या देशाच्या सीमांचें रक्षण करपी देशाचे सैनिक, अंतर्गत सुरक्षा राखपी अर्धसैनिक दळां, पोलिस, अग्निशामन द हांतुतल्या ज्ञात-अज्ञात शुरवीरांक हें सभागृह आपल्यो संवेदना व्यक्त करता.

→ विधानसभेच्या कामकाजाचें वृत्तांकन करपी समेस्त PRINT & ELECTRONIC MEDIA, PHOTO-JOURNALIST ह्या सगळ्यांनी जनतेक योग्य म्हायती पावोवपाचें काम केलां. हांव ह्या सगळ्यांकूय कृतज्ञता व्यक्त करतां.

→ संविधानान घालून दिल्ल्या मर्यादांचें पालन करून, जनतेचे प्रश्न आग्रहान मांडपी तुमी सगळे आमदार आनी त्या प्रश्नां सहानुभूतीपूर्वक सुटावो करपाक यत्न करपी सगळे मंत्री हांचें हांव अभिनंदन करतां.

**VALEDICTORY REMARKS BY HON. SPEAKER**

**19.10.2021**

Hon. Members, today as we draw the curtains to the Sixteenth Session of the Seventh Legislative Assembly, which commenced on the 18th October, 2021. We transacted a productive business, which was spread over a duration of 13 hours and 25 minutes , during its 2 days session.

The Hon. Members, performed their legislative duties in an efficient manner and have represented their constituents in a true sense, because they have deliberated matters of urgent public importance, in the form of 77 Starred and 225 Unstarred Questions, out of which 3 Starred were orally answered and the rest of the Questions were laid on the Table of the House.

In this Session, 16 Zero Hour Mentions, 4 Calling Attentions, 15 Obituary and 10 Congratulatory References, were taken up. Besides 15 Papers were laid on the Table of the House.

The Assent of the Hon. Governor to 19 Bills passed by the Fifteenth Session, 2021, were reported in the House. The Fifth Report, 2021, of the Business Advisory Committee Report was presented in the House.

The Supplementary Demands for Grants for the year 2021-2022 (Second Batch) were presented, discussed, voted and passed by the House and the connected the Goa Appropriation (No. 5) Bill, 2021, was passed by the House.
In addition to the Appropriation Bill, 2 other Government Bills, namely the Goa Preservation of Trees (Amendment) Bill, 2021 and the Goa (Verification of Tenants) Bill, 2021, were referred to the Select Committee.

In conclusion, I would like to thank the Hon. Leader of the House, Dr. Pramod Sawant, the Hon. Leader of the Opposition, Shri Digambar Kamat, the Hon. Dy. Speaker, Shri Isidore Fernandes, all the Hon. Members, Secretary, Namrata Ulman, the Officials/staff of the Legislature and the Government Departments and the various agencies, for making this Session, an eventful one.

I would also place my appreciation to the Members of the media, for effectively covering the business transacted by the House to the doorstep of the common man.

Let us now rise for the National Anthem.

I now adjourn the House *Sine die.*

********

→ ~~अध्यक्ष कार्यकाळाखातीर बसका~~ — VALEDICTORY REMARKS.

Turns to

→ "सर्वे भवंतु सुखिनः, सर्वे संतु निरामया:
सर्वे भद्राणी पश्यंतु, मा काश्चिद् दुःखमाप्नुयात्"
हो भारतीय संस्कृतीतली विश्वकल्याणाची प्रार्थना करून
हांव विधानसभेचें कामकाज अनिश्चित काळाखातीर
तहकूब करतां.

—— जय हिंद - जय गोंय ——